Akashwani Panaji

Regional News

23rd Feb 2026 7.20 PM

RASHMI / ganesh 211

पारंपरीक दर्याच्या ज्ञानाक आधुनिक तंत्रज्ञानाची जोड मेळयार दर्यासंबंदी अर्थवेवस्था आनीक घटमुट जातली, अशी आस्त मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी उक्तायली. दोना पावलच्या एनआयओ सभाघरात सोमारा संवसारीक सागरी परिशदेचे (ओशियन काँग्रेस) उक्तावण जाले. उक्तावण सुवाळ्याक गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू हरिलाल मेनन, विज्ञान भारतीचे अध्यक्ष प्रसाद रांगणेकार हाजीर आशिल्ले. गोंयांत एनआयओ, एनसीएओआर, कृशी संशोधन संस्था, आयुश संस्था, आयआयटी, एनआयटी अशो संस्था आसा. हाका लागून विज्ञानाचो प्रचार आनी विज्ञानीक वातावरण गोंयांत बऱ्या प्रमाणात आसा. गोंयच्यो दर्यादेगो ह्यो पर्यटन मळार फामात आसा. पर्यटन, नुस्तेमारी, जहाज बांदणी हे उद्देग दर्याचेर निंबून आसा. दर्या ह्या प्रदेशाची अर्थिक , हवामान, पर्यटन, तशेच सच्चया जीणेचे मुलावे स्त्रोत आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. दर्यात कितेत घडटा, ताचेपासत, जर्यात किते बदल जाल्यात, ताचो मानवी तशेचं जलचर प्राणी, नुस्ते हांच्या जीवनाचेंर जावपी परीणाम, सायबर केस्युरीटी, दर्यातले प्रदुशण. हाचेकातीर असा पध्दतीचे परीशदो जावप महत्वाचे आसा. हातुल्यान कोस्टल प्रीपेडनसाखातीर विज्ञानिक अभ्यास जावन मार्गदर्शन मेळप मबत्वाचे आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

World ocean science congress चे उक्तावण आयज पणेज दोनापावला राश्ट्रीय समुद्रविज्ञान संस्थेच्य सभाघरात जाले. त्यावेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले

गोंयची 25 टक्के जनता ही प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष तरेन दर्याकडेन संबंदीत आसा. अशा ह्या गोयांत संवसारीक मळावेली सागरी परिशद जावप ही अभिमानाची गजाल आसा, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें २३- २६ फेब्रुवारी ही परीशद समुद्र विज्ञान सस्थेच चलतली. हांतुन वित्रानिक मळावेले

संशोधक, वित्रान तत्र, विज्ञानाचे शिक्षण घेवपी विद्यार्थी, धोरणा आखपी मुखेली असो आसपाव आशिल्लया एक हजार प्रतिनिदीनी वाटो घेतला.तीन चलपी हय कर्यावळीत  हवामानाचेर नियंत्रण दवरप,  दर्यातली प्राणवायुची पातळी वाडवप, जैवविविधताय आनी उदरनिर्वाह तिगोवन दवरप, ओशन मिनरल. म्हासागरांचें समाजीक-अर्थशास्त्र,महासागर साक्षरता आनी शिक्षण,दर्या आदारीत स्टार्टअप आनी तंत्रज्ञान,दर्यावेलि सुरक्षा देखरेख आनी शासन हाचेविसीमार्दर्शन चर्चा आनी  दर्याविंशी धोरणा तयार करपाक लागपी अभ्यास जातलो. केची, विसाखापट्टनम. चेनन्य उपरांत आता ह्या परीशदेचे गोंयांत आयोजन केला.

GANESH/RASHMI    183

 गोंय ग्राम समृद्दी येवजणे खाला दरेकी मतदारसंघात एक तरी प्रकल्प पुराय जातलो. तशेच अर्थसंकल्पात हे येवजणे खातीर फाटले वर्सा  परस अंदू चड तजवीज करतलें, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलां. हे फुडें आमदारांनी शिफारस केल्या प्रकल्पांक प्राधान्य दितले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी बसका घेवन गोवा ग्राम समृद्दी येवजणेचो नियाळ घेतलो. हे येवजणे खाला राज्यात 131 प्रकल्प सुरू आसा. या प्रकल्पांच्या कार्यवायेचो मुखेलमंत्र्यांनी नियाळ घेतलो. बसकेक आरडीएचे अधिकारी हाजीर आशिल्ले. फाटले अर्थसंकल्पात गोवा ग्राम समृद्दी येवजणे खातीर 20 कोटींची तजवीज आशिल्ली. अंदूच्या अर्थसंकल्पात चड निधीची तजवीज जातली, अशं मुखेलमंत्र्यांनी बसके उपरांत सांगलें. उदरगतीचो फायदो गोंयच्या दर एका कोनशाक पावचो हे खातीर ह्या व्यापक नियाळाचो हेतू आशिल्लो अशें मुखेलमंत्र्यान ह्या बसकेउपरांत  सांगलें. ह्या बसके दरम्यान सगल्या 40  मतदारसंघांतल्या आमदारांनी शिफारस केल्ल्या कामांक प्राधान्य दिवपाचो नार्णय जाला. येवजणे खाला दरेका मतदारसंघांत उण्यांत उणो एक प्रकल्प चालीक लावपाची खात्री करप,भौशीक मुळावी बांदावळ आनी समुदाय उदरगतीच्या कामांची प्रभावी अंमलबजावणी करपाक मेळची म्हूण येवपी अर्थीक वर्सा वाडयल्लो अर्थीक आदार आनी सद्याच्या ₹20 कोटी वाटपा परस चड निधीची तरतूद, समतोल प्रादेशिक उदरगत आनी राज्याची बुन्याद घटमूट करपी

तळागाळांतल्या प्रकल्पांची बेगीन अंमलबजावणी करपा खातीर  काम करपाचे मुखेल निर्णय जाल्यात.

Rashmi

39ए कलम रद्द करचे अशी मागणी करपी व्हड प्रमाणांत महा आंदोलन आयज पणजेत तापले.हे कलम रद्द करचे अशी मागणी करून लेगीत सरकार कानामनार घेना असो आरोप करीत राजकी फुडारी आनी पाले शिरदोण नागरीकांनी तशेंच तांच्या आंदोलनाक तेको दीवपी समर्थकांनी शार उदरगत मंत्री विश्वजीत राणे हांच्या दोनापावलच्या बंगल्याचेर चलुन मोर्चो वरपाचो व्हरपाचो यत्न केलो.. हो मोर्चो पणजे आझाद मैदानावेल्यान सूरू जाल्लो मात पुलिसांनी आंदोलनकारांक दोनापावला सर्कलाकडे आडयले. आयज ह्या आंदोलनाक राज्यभरातल्या कांय नागरीकांनी तैको दीवन 39 A कलम रद्द करचे अशी मागणी केली.

SUSHANT 53

काणकोणच्या सादोळशे इग्रजीचे पाद्री आनी फामाद कोंकणी लेखक मायरन जेसन बार्रेटो हे दालगाद कोंकणी अकादेमीचे अध्यक्ष म्हूण वेंचून आयल्यात.२०२६ ते २०२९ अशा तीन वर्सांखातीर वेंचून आयिल्ल्या कार्यकारी समितींत  सोनिया गोम्स, वासाल कार्वाल्हो, अँथनी फर्नांडीस उर्फ अँथनी सद्य, आग्नेल फर्नांडीस उर्फ आग्नेल द बोरी, विली गोयस आनी फादर लुईस झेवियर गोम्स हांचोय आसपास आसा

JAN 160

आदिवासी विद्याथ्र्याखातीर आशिल्ली, गगन भरारी शिक्षण येवजण घेवपाक सगळ्या पात्र विद्यार्थ्यांनी बेगोबेग अर्ज करचे अशे शिक्षण संचालनालयान मांगला. अनुसूचीत जाती खातीर आशील्ल्यो हेर येवजण्यो घेतल्यार लेगीत ह्या येवजणेक विद्यार्थी पात्र आसात अशे शिक्षण संचालनालयान आपल्या परीपत्रकातल्यान सांगला. गगन भरारी शिक्षण येवजण  तशेंच गुणवत्ता आधारीत

पुरस्कार येवजण ह्या दोनूय येवजण्यांची अर्जाची मुजत आता २८ फेब्रुवारी २०२६ मेरेन वाडयल्या. पात्र विद्यार्थ्यांनी ह्या येवजण्याखातीर अर्ज करचे अशे आवाहन आदिवासी कल्याण खात्यान केला. राज्य सरकाराच्या आदिवासी कल्यण विभागान या संबंधीचे परिपत्रक जारी करून सगळ्या शाळांक ते विशी म्हायती दिल्या. सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी आपल्या विद्यार्थ्यांक ह्या तारखांची म्हायती दिवंची अशें मांगलां. तारखो अश्यो आसात : गगन भरारी शिक्षण येवजण तशेंच गुणवत्ता आधारीत पुरस्कार येवजणे खातीर सीएम स्कोलरशिप पोर्टलावरवी अर्ज करपाची निमणी तारीख - २८ ऑक्टोबर २०२६ ; शाळा पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख - १० मार्च २६ ; जिल्हो पांवड्यार अर्ज तपासणेची निमणी तारीख - २० मार्च २६ अशी आसा. ह्या तारखांनी आनीक मुजत वाड मेळची ना अशें आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकर हांणी कळीत केलां.

202 SIR

गोंय राज्य कला आनी संस्कृती संचालनालयान सुरू केल्ल्या ‘मासीक प्रयोग सांज’ उपक्रमांतल्यान गोंयांतले नाट्य कलाकार आनी संस्था दर म्हयन्याच्या निमाण्या शेनवारा नाट्यकृती सादर करतात. फेब्रुवारीच्या निमाण्या शेनवारा म्हळ्यार २८ फेब्रुवारीक सांजवेळा ६.३० वरांचेर रुणाल कोलकणकार आनी ताचो पंगड शारिरीक हालचालींचेर आदारिल्लें "अनरिटर्न" हें मौन नाटक सादर करतले. लेखन आनी दिग्दर्शन रुणाल कोलकणकार, जाल्यार पार्श्वसंगीत निखिल मार्दोलकाराचें आसा.

Dip 169

अटल निर्णय - गोवा कोडस2026 " ही सर्त राज्यासामकार आशिल्ल्या गंभीर पर्यावरणीय आव्हानांक , खास करून प्रदूशण आनी कोयर वेवस्थापना कडेन संबंदीत प्रस्न सोडोवपाक तयार केल्ली आसा. . ही सर्त यत्ता 6 वी ते 9 वीच्या विद्यार्थ्यांक तंत्रज्ञान, जागरूकताय आनी सामुदायिक सहभागा वरवीं पर्यावरणीय परिवर्तनात

सक्रिय सहभागी जावपाक सक्षम करता. सर्तीचो पयलो टप्पो- शालेय पांवड्यार निवड फेरी वरवीं 2 फेब्रुवारी 2026 दिसा संस्था प्रमुखां खातीरच्या राज्यव्यापी दिशानिदेशन सत्रां वरवीं सुरू जाली.

Imd

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड तापमान३१.6 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे २२.८ औंश सेल्सिअस नोंद जाला.

SPORTS

चाललेंजर्स स्पोर्ट्स क्लबाचा १०२ धावड्यानी , पराभाव करून पेडणे cultural sports cluban गोय क्रिकेट संघटनेन आयोजित केल्ल्या उत्तर गोय अ गट league क्रिकेट सर्तींत जैत मेळयलें